गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो मजलो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक . 01 वर्स 2023**

सकयल दिल्ल्या पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात. अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 27-01- 2023 आसा. ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो सुचोवण्यो जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी विज्ञानीक पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारसीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, **"सुचोवण्यांत"** नमूद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

## I. नोंदणीकरण खातें

**नागरी निबंधक – आनी - उप निबंधक (Civil Registrar - cum - Sub Registrar) ..... 6 पदां ( 3- अन-आरक्षीत, 2- हेर मागास वर्गिया खातीर & 1- अर्थीक नदरेन दुबळे आशिल्ल्यांक) (ईडब्ल्यूएॅस)**

**वेतन श्रेणी:** रू. 9,300- 34,800+ 4,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 7 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय** :-

**आवश्यक** (i) भारतांतल्या मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान कायद्याची पदवी वा ताचे समान हेर खंयचीय पात्रताय. (ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक** : मराठीचें गिन्यान.

## II.भौशीक भलायकी खातें

**ए. गोंय वैजकीय महाविद्यालय**

**1. सहाय्यक प्राध्यापक : (Assistant Professor in)**

(i) **वैजकी गॅस्ट्रोएॅण्टेरोलॉजी (Medical Gastroenterology) .... 1 पद (अर्थीक नदरेन दुबळे आशिल्ल्यां खातीर आरक्षीत) (3 रे फावटी)**

(ii)**इंडोक्रिनॉलॉजी ( Endocrinology) .... 1 पद (हेर मागास वर्गिंया खातीर आरक्षीत) (5 वे फावटी)**

**(iii) नॅफ्रोलॉजी (Nephrology) ..... 2 पदां (1- अन- आरक्षीत,1 पद हेर मागास वर्गियां खातीर आरक्षीत) (4 ते फावटी)**

**वेतन श्रेणी:** रू.15,600- 39,100 + 6,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें) **पिराय -** 45 वर्सां परस उणी.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 (1956 चो कायदो क्र. 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 (1956 चो कायदो क्र. 102) च्या कलम 13 पोट-कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) संबंदीत खासा विशेशतायेंत वा तत्सम हातूंतल्यान पदव्युत्तर पदवी वा तत्सम. (iii) मान्यताय प्राप्त वैजकी महाविद्यालय/ वैजकी पदवी (डी.ऍम)/ मास्टर ऑफ चिरूरजिया (ऍम.सीऍच) ची पात्रताय पदवी मेळयल्या उपरांत वैजकी महाविद्यालय/ शिक्षणीक संस्थेंत खासा- विशेशतायेच्या विशयांत उण्यांत उणो एक वर्स शिकोवपाचो/ संशोधनाचो अणभव आसूंक जाय.

**टीपः तीन वर्सां कालावधीची वैजकी पदवी (डी.ऍम.) /मास्टर ऑफ चिरूरजिया (ऍम.सीऍच.) च्या उमेदवारांक अणभवाची आवश्यकता ना.**

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:**– मराठीचें गिन्यान.

**2. वैजकी शास्त्रांत व्याख्यातो (Lecturer in Medicine) .... 1 पद ( अनुसुचीत जमाती खातीर आरक्षीत) (9 वे फावटी)**

**वेतन श्रेणी:** रू.15,600-39,100+ 6,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय :-**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 13 पोट-कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) संबंदीत खासा विशेशतायेंत वा तत्सम हातूंतल्यान पदव्युत्तर पदवी. (iii) आवश्यक पदव्युत्तर पदवेची मान्यताय प्राप्त जाल्या उपरांत वैजकी महाविद्यालय /शिक्षणीक संस्थेंत वरिश्ठ निवासी /निबंधक/

अनुशिक्षक (**Tutor**)/ निदर्शक (**Demonstrator**) म्हूण संबंदीत विशेशतायेंत उण्यांत उणो 3 वर्सां शिकयल्ल्याचो अणभव आसूंक जाय.

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक**:- मराठीचें गिन्यान.

**3. सहयोगी प्राध्यापक:** (Associate Professor in)

**(i) रक्तसंक्रमण वैजकीशास्त्र, (Transfusion Medicine) .... प्रतिनियुक्तीचेर बदली करून** ..... **1 पद (अन- आरक्षीत)**

**(ii) जेरियेट्रिक्स वैजकीशास्त्र, (Geriatrics Medicine) ..... प्रतिनियुक्तीचेर बदली करून** ..... **1 पद (अन- आरक्षीत)**

**वेतन श्रेणी:** (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें)

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय** :-

**आवश्यक**: केंद्र /राज्य सरकार/केंद्र शासीत प्रदेश क्षेत्रांत अनुरूप श्रेणींतले समान पद धारण केल्ले अधिकारी (प्रतिनियुक्तीचो कालावधी सादारणपणान 3 वर्सां परस चड आसूंक जायना)

**4. रक्तसंक्रमण वैजकी शास्त्रांत प्राध्यापक, (Professor in Transfusion Medicine) प्रतिनियुक्तीचेर बदली करून** ..... **1 पद (अन- आरक्षीत)**

**वेतन श्रेणी:** (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 13 प्रमाणें)

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय** :-

**आवश्यक**: केंद्र /राज्य सरकार/केंद्र शासीत प्रदेश क्षेत्रांत अनुरूप श्रेणींतले समान पद धारण केल्ले अधिकारी(प्रतिनियुक्तीचो कालावधी सादारणपणान 3 वर्सां परस चड आसूंक जायना)

**5. जेरियेट्रिक्स वैजकी शास्त्रांत सहाय्यक प्राध्यापक (Assistant Professor in Geriatrics Mediine) ……1 पद (अन- आरक्षीत)**

**वेतन श्रेणी: रू.** 15,600- 39,100 **+** 6,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें) **पिराय -** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 (1956 चो कायदो क्र. 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 (1956 चो कायदो क्र. 102) च्या कलम 13 पोट-कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) राष्ट्रीय वैजकी आयोग (आदलें भारतीय

वैजकी मंडळ) मान्यताय प्राप्त वैजकी महाविद्यालय / संस्थे कडल्यान संबंदीत खासा विशेशतायेंत वा तत्सम हातूंतल्यान पदव्युत्तर पदवी. (iii) आवश्यक पदव्युत्तर पदवी उपरांत व्याख्यातो म्हूण वा वैजकी महाविद्यालयांत /शिक्षणीक संस्थेंत समकक्ष शिक्षणीक पदाचेर संबंदीत विशेशतायेंत उण्यांत उणो तीन वर्सां शिकयल्ल्याचो अणभव आसूंक जाय. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक**:- मराठीचें गिन्यान.

**6. संबंदीत भलायकी विज्ञान शिक्षण क्रमांत ऑप्टोमॅट्रीत (Optometry) सहाय्यक प्रध्यापक .... 1 पद (अन- आरक्षीत)**

**वेतन श्रेणी: रू.** 15,600- 39,100 **+** 6,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें) **पिराय -** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i)मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान ऑप्टोमॅट्री (Optometry)/ ऑप्टोमॅट्रींत तत्वगिन्यानाचे पदव्युत्तर(एम फिल) विशयांत मास्टर्स पदवी (ii) सहाय्यक प्राध्यापक/व्याख्यातो म्हूण संबंदीत विशेशतायेंत पांच वर्सां शिकोवपाचो अणभव. (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक**:- (i)विद्यापीठ अनुदान आयोगान मान्यताय दिल्ल्या विद्यापिठांतल्यान ऑप्टोमॅट्रींत डॉक्टर ऑफ फिलॉसॉफी (पीएचडी) पदवी. (ii) उच्च दर्जाचें स्वतंत्र प्रकाशन (iii)मराठीचें गिन्यान.

**<u>ब. भलायकी सेवा संचालनालय</u>**

1. **कनिश्ठ अस्तुरी रोगशास्त्री (Junior Gynaecologist) .... 1 पद (अन- आरक्षीत) (3 रे फावटी)**

**2. कनिश्ठ ओर्थोपेडीक्स शल्यचिकित्सक (Junior Orthopaedic Surgeon ) ...1 पद (अन- आरक्षीत)**

**वेतन श्रेणी: रू.** 15,600 – 39,100 **+** 5,400 (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) **पिराय -** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकी कायदो, 1956( 1956 चो 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II ( सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 13 पोट कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) पदव्युत्तर पदवी नासल्यार, त्या क्षेत्रांतली विशेश पदविका. (iii) पदविका धारकाक, पदव्युत्तर पदविका मेळयल्या उपरांत संबंदीत विशेशतायेंत जापसालदारकेच्या पदाचेर 2 वर्सां काम केल्ल्याचो अणभव. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक :–** मराठीचें गिन्यान.

**<u>सी. गोंय दांत महाविद्यालय आनी हॉस्पिटल</u>**

**व्याख्याते :**

**(i) पिरियडॉन्टोलॉजी (Periodontology) ..... 1 पद (अन- आरक्षीत)**

**(ii) ओरल पॅथोलॉजी आनी मायक्रोबायलॉजी (Oral pathology and microbiology) ....1 पद (अनुसुचीत जाती खातीर आरक्षीत)**

**(iii) ओरल वैजकी शास्त्र आनी विकिरण शास्त्री (Oral Medicine and Radiology) ..... 1 पद (अर्थीक नदरेन दुबळे आशिल्ल्यां खातीर आरक्षीत)**

**वेतन श्रेणी:** रू.15,600-39,100+ 5,400/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक-** (i) दांत चिकित्सा कायदो 1948 चे (1948 चो 16 ) वळेरींतल्या भाग I आनी भाग II हातूंत आसपावीत केल्ली पात्रताय. (ii) डॅण्टिस्ट्रींत पदव्युत्तर पदवीची पात्रताय म्हणल्यार मान्यताय प्राप्त संस्था वा तत्सम हातूंतल्यान संबंदीत विशेशतायेंत दांत शल्यचिकित्सेंत मास्टर. (iii) दांत मंडळा कडेन नोंदणीकृत आसूंक जाय. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:–** (i) पदव्युत्तर पदवी उपरांत मान्यताय प्राप्त संस्थेंत एक वर्स शिकोवपाचो अणभव. (ii) मान्यताय प्राप्त दांत महाविद्यालय / वैजकी महाविद्यालय जंय दांत विभाग / दांत संस्था आसा, हातूंत निबंधक / ट्युटर / वरिश्ठ निवासी / निदर्शक म्हूण डॅण्टिस्ट्रीच्या संबंदीत विशेशतायेंत तीन वर्सांचो अणभव. (iii) मराठीचें गिन्यान.

**<u>III. अभियोजन संचालनालय</u>**

**सहाय्यक भौशीक अभियोक्ता** (Assistant Public Prosecutor) **.... 1 पद ( हेर मागास वर्गियां खातीर आरक्षीत) (4 ते फावटी)**

**वेतन श्रेणी:** रू.15,600-39,100 +5,400 (पूर्व सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) **पिराय:-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:**(i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान कायद्याची पदवी वा खंयचीय तत्सम पात्रताय (ii) 2 वर्सां खातीर वकील म्हूण काम केल्लें आसूंक जाय. iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:**– (i) मराठीचें गिन्यान.

## IV. उच्च शिक्षण संचालनालय

### ए. सरकारी महाविद्यालय

1. **सहाय्यक प्राध्यापक (Assistant professor in)**

**(i) मराठी (**Marathi) ..... 1 **पद (अन- आरक्षीत) (5 वे फावटी)**

(ii) **भौतीकशास्त्र** (Physics) ..... 1 **पद (अन- आरक्षीत) (5 वे फावटी)**

(iii) **वाणिज्य** (Commerce) ..... 11पदां **(5 पदां हेर मागास वर्गियां खातीर आरक्षीत, 5 पदां अनुसुचीत जमाती खातीर आरक्षीत & 1 पद अनुसुचीत जाती खातीर आरक्षीत) (3 रे फावटी)**

**वेतन श्रेणी:** रू.15,600-39,100+6,000/-(पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) **पिराय -** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** भारतीय विद्यापिठांतल्यान संबंदीत विशयांत पदव्युत्तर पदवी पांवड्यार उण्यांत उणे 55% गूण वा तत्सम श्रेणी घेवन बरी शिक्षणीक नोंद वा विदेशी विद्यापिठांतल्यान तत्सम पदवी. (ii) सहाय्यक प्राध्यापक म्हूण नेमणुके खातीर राष्ट्रीय पात्रताय परिक्षा (ऍनईटी)/राज्य स्तरीय पात्रताय परिक्षा (ऍसईटी) ह्या परिक्षांची आवश्यकता सक्तीची आसतली पूण ज्या उमेदवारांक पीएच.डी दिल्या वा मेळळया जी "विद्यापीठ अनुदान आयोग (पीएच.डी पदवी खातीर किमान मानक आनी पध्दत), नियमन 2009 चें पालन करून दिल्या, तांकां महाविद्यालयांत प्राध्यापक वा त्या पांवड्या वयल्या पदा खातीर भरती वा नेमणूक करतना ऍनईटी/ऍसईटी चे किमान पात्रताये पासून सूट मेळटली" (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक -** (i) संबंदीत विशयांत पीएच.डी वा ऍम. फील. (ii) मराठीचें गिन्यान.

***पदवीधर आनी मास्टर स्तराचेर ऍससी/ऍसटी/ओबीसी/पीडब्ल्यूडी वर्गां खातीर पात्रतायेच्या उद्देशान आनी शिक्षणीक पदांचेर थेट भरती करतना बऱ्या शिक्षणीक नोंदीचें मूल्यांकन करपा खातीर 5 टक्के सूट दिवंक शकता.**

**बी. गोंय गृह विज्ञान महाविद्यालय (Goa College of Home Science)**

**ग्रंथपाल (Librarian) ..... 1 पद (अन- आरक्षीत) (4 ते फावटी)**

**वेतन श्रेणी:** रू.15,600-39,100+6,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय :-**

**आवश्यक:** (i) उण्यांत उणे 55% गुणा सयत वा ताचे तत्सम यूजीसीचे 7 पॉयण्ट स्केल प्लस ग्रेड 'बी' सयत ग्रंथालय विज्ञानांत/माहिती विज्ञानांत/दस्तावेजीकरण वा वेवसायांत तत्सम पदवी सयत बऱ्या शिक्षणीक वावराचें ज्ञान, ग्रंथालयाचें संगणकीकरण. (ii) विद्यापीठ अनुदान आयोगान प्रयोजना खातीर आयोजीत केल्ले राष्ट्रीय पात्रताय परिक्षा (ऍनईटी) वा विद्यापीठ अनुदान आयोगान अधिमान्य केल्ले राज्य स्तरीय पात्रताय परिक्षेंत (ऍसईटी) निव्वळ पात्रताय. पीएच.डी. पदवी आशिल्ल्या उमेदवारांक ऍनईटीचे किमान पात्रताये पासून सूट मेळटली. उमेदवार जे पीएच.डी पदवी धारक आसून विद्यापीठ प्रणालींत भरती आसात आनी 1991 वर्सा पयली मास्टर्स पदवी घेतिल्ले आसात तांकां महाविद्यालयीन ग्रंथपाल नियुक्ती खातीर 55% तल्यान 50% अशी 5%ची सूट दितले. **(v)** कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक -** (i) संबंदीत विशयांत पीएच.डी वा एम. फील. ग्रंथालय विज्ञानांत/माहिती विज्ञानांत/दस्तावेजीकरण/पुराभिलेखसंग्रह आनी हातबरपांत पदवी. (ii) मराठीचें गिन्यान.

## V. कृषी संचालनालय

**सहाय्यक कृषी अधिकारी (Assistant Agriculture Officer) ..... 6 पदां (4 - अन-आरक्षीत,1 – हेर मागास वर्गीय, 1- अनुसुचीत जाती) 6 पदां मदीं 1 पद दिव्यांगा खातीर आरक्षीत –** (पोट कलमा अंतर्गत व्यक्ती मदली जायती दिव्यांगताय (a) ते (b) भेरे- दृश्टीहीण देखीक (a) दृश्टीहीण आनी उणी नदर (b) भेरें आनी आयकुपाक कमी येवप (c) मेंदवाचो अर्धांगवायू (सॅरॅब्रल पाल्सी), कुश्ठरोगांतल्यान बरो जाल्लो, गिड्डो (ड्रॉफिजम), ऍसीड हल्लो पिडीत आनी पेशीय दुर्विकास (मस्कुलर डिस्ट्रॉफी) आसपावन चलपाची विकलांगताय आशिल्लें d) स्वमग्नताय (ऑटीजम), मंदबुध्दी (इण्टॅलॅक्च्युअल डिसॅबिलिटी), अध्ययना खातीर अक्षताय आनी नेर्वा (मॅण्टल इलनस) **[2 अन- आरक्षीता खातीर 3 रे फावटी, 1 अनुसुचीत जमाती खातीर 8 वे फावटी, 1- दिव्यांगा खातीर 2 रे फावटी]**

**वेतन श्रेणीः** रू. 9,300-34,800+4,200/- (पूर्व सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 6 प्रमाणें) **पिरायः** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः-**

**आवश्यक-** (i) भारतीय कृषी संशोधन मंडळाचे मान्यताय प्राप्त कृषी विद्यापिठांतल्यान कृषी/फलोत्पादन विशयांत पदवीधर. (ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:–** (i) मराठीचें गिन्यान. (ii) कृषी/फलोत्पादनांत तीन वर्सांचो अणभव.

**टीपः दिव्यांग श्रेणींतले उमेदवार उपलब्ध नासल्यार अन- आरक्षीत श्रेणींतल्यान तितलींच पदां रिक्त दवरतले.**